# Akashwani Panaji
## National news

31st August 2026 6.30 pm

Pm 138

बिश्केकांत जावपी शांघाय सहकार संघटनेच्या फाटभुयेर आयज प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी इराणाच्या इस्लामी प्रजासत्ताकाचे राष्ट्राध्यक्ष मसूद पेजेशकियन हांचे कडेन द्विपक्षीय बसका घेतली. दोनूय फुडाऱ्यांनी द्विपक्षीय संबंदांचेर चर्चा केली. तशेंच अस्तंत आशियांतल्या संघर्शांतल्या हालींच्या घडणुकांचेर चर्चा केली आनी विकसीत जावपी परिस्थितीचो नियळ घेतलो . ह्या वाठारांत तणाव वाडपाचो हुस्को प्रधानमंत्र्यानि उक्तायलो आनी सगळे प्रस्न संवाद आनी मुत्सद्देगिरी वरवीं सोडोवपाक जाय अशी भारताची भुमिका सातत्यान सांगली. येरादारी आनी वेपाराचें स्वातंत्र्य राखपाचो उलो मारून तांणी वेपारी जहाज आनी दर्यावेल्या सयत नागरी मुळाव्या साधनसुविधांक खंयचेच परिस्थितींत त्रास जावंक फावना हचेर भर दिलो.

President

राष्ट्रपतीं द्रौपदी मुर्मू हानी कापड क्षेत्र हो भारताच्या सांस्कृतीक दायजाचो म्हत्वाचो भागच न्हय तर लाखांनी लोकांक उदरनिर्वाहाची वेवस्था करता अशें आयज सांगलें. नॅशनल इन्स्टिट्यूट ऑफ फॅशन टेक्नॉलॉजी nift च्या दीक्षांत सुवाळ्यांत उलोवप करतना राष्ट्रपती मुर्मू हांणी विद्यार्थ्यांक देशांतल्या गिरेस्त सांस्कृतीक दायजांत आनी मुल्यांत रुजून उरपी सखोल नदर आपणावपाचो उलो मारलो. फॅशन उद्देगांत बायलांची वाडट्या भुमिकाचेर भर दितना राष्ट्रपतींनी , ह्या कार्यावळीक हाजीर आशिल्ल्या सुमार चार हजार विद्यार्थ्यां मदले सुमार 85 टक्के विद्यार्थी बायलां आसात अशे नोंद केलें . फॅशन क्षेत्रांत भारताची संवसारीक सुवात वाडोवपाची अफाट तांक आसा हाचेर तांणी भर दिलो . देशांतल्या पारंपारीक कापड दायजाक समकालीन बाजारपेठ आनी नव्या तंत्रगिन्याना कडेन जोडपा खातीर विद्यार्थ्यांनी आपलें गिन्यान, कुशळटाय आनी सृजनशीलताय वापरचें अशें राष्ट्रपती मुर्मू हांणी आवाहन केले.

Vaishnav

देशांतल्या चिप उत्पादन पर्यावरण प्रणालीक चालना दिवपा खातीर सरकारान आयज 1.27 लाख कोटी रुपया खर्च करून सेमीकॉन 2.0 येवजणेची अधिसुचोवणी केल्या. हाचे वांगडा फुडल्या वर्सांनी संवसारीक अर्दवायू उद्देगाच्या बाजारांत भारताचो सुमार 10 टक्के वांटो आसूं येता आनी संवसारीक अर्दवायू मोल साखळींत ताची मुखेल भुमिका जावपाची आसा अशें केंद्रीय इलॅक्ट्रॉनिक्स आनी म्हायती तंत्रज्ञान मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी आयज नवी दिल्लींत पत्रकार परिशदेंत उलयतना सांगलें. देशाक संवसारीक अर्दवायू मोल साखळींत रुजोवपाचेर सरकाराचें लक्ष आसा अशें मंत्री वैष्णव हांणी सांगलें.

Puri 69

केंद्रीय पेट्रोलियम आनी सैमीक वायू मंत्री हरदीप सिंग पुरी हांणी आयज भारत आनी कतार हांचे मदीं भागीदारी आसा अनि तातूंत उर्जा सहकार्य हो एक मुखेल खांब आसा अशे म्हणले . सोशल मिडिया पोस्टांत मंत्री पुरी हानी पेट्रोनेट द्रवीकृत सैमीक वायू म्हल्यार lng आनी कतारएनर्जी हांचे मदल्या 20 वर्सांच्या एलएनजी कराराचेर भर दिलो.दोन देशां मदल्या उर्जा भागीदारींतलें एक म्हत्वाचें काम आनी भारताच्या दीर्घकालीन उर्जा सुरक्षेचो एक म्हत्वाचो खांब अशें तांणी वर्णन केलां.

Gdp 127

भारताच्या प्रत्यक्ष एकूण घरगुती उत्पादन म्हल्यार gdp 2026-27 वित्तीय वर्साच्या पयल्या तिमाहींत 7.8 टक्क्यांनी वाड जाल्या, जाल्यार फाटल्या वित्तीय वर्साच्या त्याच काळांत 6.9 टक्क्यांनी वाड जाल्या. तशेंच चालू अर्थीक वर्साच्या पयल्या तिमाहीत अल्प जीडीपींत 10.3 टक्क्यांनी वाड जाल्या. सांख्यिकी आनी कार्यावळीची अंमलबजावणी मंत्रालयान आयज चालू अर्थीक वर्सा एप्रिल ते जून मेरेनच्या पयल्या तिमाही खातीर जीडीपीचो त्रैमासिक अदमास जाहीर केला.

Nadda

केंद्रीय भलायकी आनी कुटुंब कल्याण मंत्री j p नड्डा हांणी आयज नवी दिल्लींतल्या Najafgarh च्या ग्रामीण भलायकी प्रशिक्षण केंद्राच्या नियाळ

बसकेचे अध्यक्षपण सांभाळले . ह्या बसके वेळार j p नड्डा हांणी केंद्रांत दुर्येतींची जतनाय, मुळावी बांदावळ, मनीसबळ, शिक्षणीक कार्यावळी आनी डिजिटल भलायकी वेवस्था घटमूट करपाचो हेतू आशिल्ल्या उपक्रमांची अंमलबजावणी करपाचो नियाळ घेतलो.

IMD

भारतीय हवामान खात्यान आयज ओडिशा आनी छत्तीसगडात उटानगराचो पावस पडपाचो अदमास उक्तायला आणि red अलर्ट जारी केला .

Sports

Czechiaत जाल्ले संवसारीक टेबल टेनिस Feeder Olomouc सर्तींत भारतीय टेबल टेनिस खेळगडो अंकुर भट्टाचार्जीन पयलेच खेपे संवसारीक टेबल टेनिस दादल्यांच्या एकेरी सर्तींत जैत मेळयलां.